## लघू वेवसायिकांची प्रधानमंत्री विमा येवजणेखाला नोंदणीखातीर ग्रामसभांनी वेवस्था

ता. 18 डिसेंबर 2018
27 मार्गशीर्ष 1940

गोंय सरकारान सुक्ष्म, लघू आनी मध्यम वेवसायिकांची प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजण आनी प्रधानमंत्री जीवन ज्योती विमा येवजणेखाला नोंदणी करपा खातीर ता. 19 डिसेंबर 2018 दिसा उत्तर गोंयात ग्रामपंचायतीनी खास मोहिम आयोजित केल्या.

थळाव्या बँकावतीन ग्राम पंचायतीनी जावपी ग्रामसभांच्या स्थळार नोंदणीची वेवस्था करपात येतली. नागरीकांनी आपली नोंदणी करपाखातीर बँक पासबूक, आधारकार्ड वा खंयच्याय हेर वळखपत्राच्या प्रतीसयत हजर रावचे.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1826